प्रादेशिक खबरो 16.06.2025 @ 7.20 pm

आकाशवाणी पणजीच्या

.. उदक सामाळुन वापरात उदकाची नाशाडी करु नाकात अशे  मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हाणी केला आवाहन

.. विकसित गोवा 2047 व्हीजन डोक्युमेंन्ट करपाखातीर खातीर सरकारान खासा क्यु. आर कोड  तयार केला.

.. गोंयच्या मीठाच्या आगराची जतनाय करपाक  सरकार बेगीनुन मीठाच्या आगराचे धोरण चालीक  लायतलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हाणी दील्या

.. गोंय क्रांती दिसाचो राज्य पांवड्यावेली मुखेल कार्यावळ 18 जुनाक सकाळी 8.45 वरांचेर पणजे आझाद मैदानाचेर जातली

Rashmi 180

सध्या  राज्यात  40 टक्के उदकाची नाशाडी जाता, ही नाशाडी कमी करुन सद्याक  कमीत  कमी 20 टक्यार हाडपाचेर सरकार  काम करता.उदकाचेर प्रक्रिया करताना एक क्युबीक मीटराक 20 रुपया खर्च येता, जाल्यार  4 रुपया प्रती क्युबीक मीटर मोलान हे उदक गोंयकारांक दितात, आनी सराकराक 16 रुपया लुकसाण जाता. उदक सामाळुन वापरात, गाडयो धुवपाक, झाडा शिपपाक  उदक  वापरुन उदकाची नाशाडी करची न्ही अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हाणी केला. हर घर नल से जल  येवजणेवरवी सांत आंद्रे मतदारसंघात  आगशे  वाठारात 2000 मीटर जमनी पातळेचेर जलाशय आनी 650 मीटर ओव्हरहेड जलाशय अशा २१ कोटी रुपया कामाचो शुभारंभ आयज  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद  सावंत हांच्या हस्तुकी जालो.ह्या प्रकल्पाचे काम देड वर्साभितर पुराय जातले. ह्या  प्रकल्पा उपरांत  आगशी, बांबोळे आनी नावशी उदका पुरवण वेवस्थित जातलो अशे मुखलमंत्र्यान म्हणला. byte- cm

प्रत्येक घराक उदक, शौचालय, रस्तो, लायट, विमो येवजण  ह्या सारख्यो  मुळाव्यो सुविधा पुरवण करपाक सरकार काम करता, ह्यानफुडे हर  घर  फायबर  म्हणल्यारुच  इंटरनेट सुविधा पुरोवपाची मोख सरकारान दवरला अशी म्हायीत मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. विद्यार्थ्यांक  डीजीटली सक्षम करपाक  सरकार शाळाची साधन सुविधा घटमुट करता. ह्यानफुडे आर्टीफीशल इन्टेलिजन्साचो उपेग करुन बरी प्रशासकी  सेवा दिवपाच्या नदरेतल्यान काम करता अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिली.

रश्मि 120

विकसित भारत  2047 अंर्तगत  विकसित गोवा 2047 व्हीजन डोक्युमेंन्ट करपाखातीर  गोंय सराकरान गोंयकारां कडल्यान सुचोवण्यो,  तांचे विचार,  सल्लो दिवपा खातीर मागयल्यात. ऑनलायन पद्दतीचो उपेग  करुन गोवा ओनलायन ह्या वेबसायटीचेंर  हे खातीर सरकारान खासा क्यु. आर  कोड  तयार करुन तो  लोकांखातीर  उक्तो केला. ह्या  क्यु आराक  स्केन करुन गोंयकार  तांच्यो  सुचोवण्या  सरकाराक  डी़जीटल  माध्यमातल्यान  दिंवक  शकतात, जाल्यार  ह्या पर्याया शिवाय आता 9953953333 ह्या नंबराचेंर  मिस्ड  कॉल दिवन सुचोवण्यो दिंवक शकतात. ह्या नंबराचेंर  मिल्ड कॉल दिल्या उपरांत  टेली कॉलर  फोन करप्याक परत फोन करतलो आनी ताच्यो सुचवण्यो रिकोर्ड करतलो. 30 जुन मेरेन सुचोवण्यो दिवपाची मजत सरकारान दिला. ह्यानपयली 25 मे मेरेन संबंधित  सुचवण्या खातीर सराकरान मुजत दिल्ली. मात उपरांत  ह्या मुजतीन सरकारान वाढ करुन 30 जुन मेरेन सुचोवण्यो नोंद करपाक  निमणी मुजत दिल्या.

रश्मि 170

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज सांत आंद्रे मतदारसंघातल्या भाटी वाठारातल्या मीठांच्या आगरांची पळोवणी केली. ह्यावेळार तळाव्या  मीठ वेवसायिकांचे किते प्रस्न आसात ते तांणी जाणुन घेतले. तशेंच पारंपारीक पद्दतीन मीठ काडपाची  गोंयच्या मीठाच्या आगराची

जतनाय करपाक सरकार बेगीनुन मीठाच्या आगराचे धोरण चालीक लायतलो अशी म्हायती तांणी शेतकारांक दिली. ह्या पळोवणी वेळार थळावे आमदार विरेश बोरकार, जैवविविधताय म्हामंडळाचे अधिकारी, तशेचं शेतकी संचालनालयाचे अधिकारी आनी उदकास्त्रोत खात्याचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले. सांत आंद्रे मतदार संघा तल्या मीठाक मार्केट मेळोवन दिवपाच्या नदरेतल्यान सरकार मजत करतले. हे मीठ सौदर्य प्रसाधना, तशेंच खावपाक आनी हेर उद्देगिक वापरांक लेगीत उपेगात हाडतात अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

सांत -आंद्रे मतदारसंघात सुमार 50 मीठाची आगरा आसात. ह्या मीठाच्या आगराक पुर्नजीवीत्त करपाखातीर सरकारान मजत करची अशी मागणी तलाव्या मीठ कारांनी केल्या. आगरांनी बांद बांदप, मानस बांदपाक, खळयो नितळ करपाक, तशेंच माखना आनी आगरांनी काम करपी मनाय घालपाक खर्च चड येता, ताका लागुन सराकरान मजत करची अशी मागणी ह्यावेळार मीठाचो वेवसाय करपी मीठकारांनी केल्या. हे शिवाय काय जाण शेतानी सेगीत कोयर हाडुन उडयील्यान शेता पेड्यार जातात, ताका लागुन तांचेर सरकारान कडक कारवाय करची अशी मागणी आमदार विरेश बोरकार हांणी केल्या.

सुभाष 120

फोडेंच्या गोवा विद्याप्रसारक मंडळाच्या श्रीमती नॅली जाईल्दो आगीयार उच्च माध्यमिक विद्यालयाच्या भांगरा उत्सवी वर्साच्या कार्यावळींचो आयज समारोप जालो. ह्या शाळेन ह्या वर्साच्या भांगरा महोत्सवांत जायत्यो कार्यावळी आयोजीत केल्ल्यो. आयच्या समारोप सुवाळयाक प्रवासी भारतीय आयुक्त ऍडव्होकेट नरेंद्र सावईकर, गोवा विद्याप्रसारक मंडळाच्या आम सभेचे अध्यक्ष भास्कर खांडेपारकर आनी गोंय विद्याप्रसारक मंडळाचे कार्यकारी समितीचे अध्यक्ष कृष्णा शेटये हाजीर आशिल्ले. फाटल्या पन्नास वर्सांत ह्या शाळेंत सेवा दिवपी शिक्षकांचो नरेंद्र सावाईकाराच्या हस्तुकी भोवमान जालो. फोंडा वाठाराच्या शिक्षणीक उदरगती खातीर गोवा विद्या प्रसारक मंडळाची थापणूक जाली आनी हे काम खरपणान फुडें वता अशें सांगून नरेंद्र सावईकर हांणी समाधान उक्तायलें. गोंय विद्या प्रसारक मंडळाच्या उच्च माध्यमीक शाळेंत शिकोवपी जायत्या विद्यार्थ्यांनी आयज उंचेली पदां

मेळयल्यात अशेंय तांणी सांगलें. ह्या वेळार उच्च माध्यमीक शाळेची प्राचार्य डॉ गीता शास्त्री भट, कार्यावळ समन्वयक निधी कामत आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

DIP 90

एम. एससी. नर्सिंग आनी पोस्ट बेसिक डिप्लोमा नर्सिंग अभ्यासक्रम– वर्स 2025-2026 प्रवेशा खातीर अर्ज आनी म्हायती पुस्तीका ता. 16 जून सावन नर्सिंग शिक्षण संस्था, बांबोळी हांगा कार्यालयीन कामाच्या वेळेत म्हळयार सकाळी 10.00 ते सांजेची 4.00 वरांमेरेन आनी शेनवारा सकाळीं 10.00 ते दनपारां 12.00 वरांमेरेन विकपाक उपलब्ध आसतली, अशें भलायकी सेवा संचालनालयाच्या भलायकी शिक्षण मंडळान कळीत केला. चड म्हायती खातीर संस्थेच्या www.ine.goa.gov.in वा www.dhsgoa.gov.in. ह्या संकेतथळाक भेट दिवची. एम. एससी. नर्सिंग आनी पोस्ट बेसिक डिप्लोमा नर्सिंग अभ्यासक्रम प्रवेशा खातीरचे पुराय भरिल्ले अर्ज स्विकारपाची निमाणी ता. 1 जुलय सांजेची 4.00 मेरेन आसा.

DIP 70

गोंय क्रांती दिसाचो राज्य पांवड्यावेली मुखेल कार्यावळ 18 जुनाक सकाळी 8.45 वरांचेर पणजे आझाद मैदानाचेर जातली. राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आझाद मैदानार हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपून आर्गां ओपतले. कार्यक्रमाक सभापती, मंत्री, विरोधी फुडारी, आमदार, सुटके झुजारी आनी हेर मानेस्त उपस्थित रावतले.

मडगांवां लोहिया मैदानाचेर सकाळीं 8.45 वरांचेर जावपी गोंय क्रांती दीस कार्यक्रमात समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी कार्यक्रमात कृशीमंत्री रवी नाईक हुतात्म्यांक आर्गां ओपतले.

DIP 100

गृह खात्यान बुधवार ता. 18 जून क स्वातंत्र्य सैनिकांक आग्वाद किल्लो आनी आझाद भवन, पर्वरी हांगा जावपी क्रांती दीस कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाक मेळचे म्हूण कदंब बसीची

वेवस्था केल्या. स्वातंत्र्य सैनिकांक आग्वाद किल्ल्याकडेन घेवन वचपा खातीर जीए-07 टी-2624 ह्या क्रमाकाची एक इलेक्ट्रीक कदंब बस , बस चालक प्रशांत आगरवाडेकर- मो. नं. 7620379319 पणजी फेरी धक्क्याकडेन रावतलो. पणजेच्या आझाद मैदानावयलो मुखेल कार्यक्रम सोपले उपरांत पणजी फेरी धक्क्याकडेन पार्क केल्ली कदंबा बस स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन आग्वाद किल्ल्याकडेन वतली आनी आग्वाद किल्ल्यावेलो कार्यक्रम जाले उपरांत बस परत पर्वरी आझाद भवनाकडेन वतली. आझाद भवनातल्या कार्यक्रमा उपरांत कदंबा बस स्वातंत्र्य सैनिकांक तांच्या घरा वचपा खातीर पणजेच्या कदंब बस स्टॅण्डार हडून सोडतली

विमान 60

अहमदाबाद विमान अपघाताच्या चौकशी खातीर सरकारान स्थापन केल्या उच्चस्तरीय समितीची पयली बसकाआज दनपारा नवी दिल्लीत जाली. ह्या दुःखद अपघाता उपरांत तीन दिसांनी, रुग्णालय अधिकाऱ्यांनी डीएनए मॅचिंगावरवी८० बळींची वळख पटयल्या, जातुन गुजरातचे आदले मुख्यमंत्री विजय रुपाणी हांचो आसपाव आसा. अहमदाबाद सिव्हिल हॉस्पिटलचे अतिरिक्त अधीक्षक डॉ. रजनीश पटेल हाणी माध्यमांक माहिती दिली की काल रातीमेरेन ८० बळींची डीएनए मॅचिंग पूराय जाली आणि ३३ कुडी त्यांच्या कुटुंबियांक सुपूर्द केल्यात .

शाह 60

केंद्र सरकारान 16 वी जनगणना करपा खातीर आयज अधिसुचोवणी जारी केली. जनगणना दोन पावंडयार जातली . जम्मू-काश्मीर लडाख, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडतल्या बर्फाळ वाठारानी 1 ऑक्टोबर, 2026 सावन जाल्यार उरील्या राज्यनी 1 मार्च 2027 सावन जनगणना सुरू जातली अशे घर मंत्रालयान जारी केल्ले अधिसुचोवणेंत म्हणलां. देशतले 34 लाख गणक आनी निरिक्षक, 1 लाख 3 हजारां परस चड अधिकारी आधुनीक मोबायल डिजिटल प्रणाली वरवीं हे प्रक्रियेंत वांटो घेतले.

तापमान 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण राज्यात मुखवेले 4 ते 5 दिस सगळ्या सुवातीनी घोगयानी पावस पडू येता तशेच वारे वराक 45 ते 55 किलोमीटर वेगान व्हावतले ताचो वेग वाडून 65 किलोमीटर जाव येता देखून नुस्तमारप्यानी दरयात वचचे न्हय अशे वेध शाळेन कळीत केला

स्पोर्ट्स 55

30 सप्टेंबर ते 2 नोव्हेंबर मेरेन भारत आनी श्रीलंकेंत जावपी 2025 वर्साच्या आयसीसी बायलांच्या एकदिसाच्या संवसारीक सर्तीचें पुराय वेळापत्रक आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट काउन्सिलान आयज जाहीर केलां. भारतांत बायलांची एक दिसाची संवसारीक सर्त चवथी खेपे जातली आनी 2013 उपरांत पयलीच खेपे भारत आपली मोहीम 30 सप्टेंबराक सुरू करतलो. बहुप्रतिक्षित भारत-पाकिस्तान मॅच 5 ऑक्टोबराक कोलंबोच्या आर प्रेमदासा स्टेडियमांर जातली.